**ग्रामीण उदरगत खात्याच्या मार्केटिंग वेबसायटीचे लॉचिंग 15 ऑगस्टाक**

ता. 12 ऑगस्ट 2021

गोंय राज्यांतल्या आप मजत गटांनी तयार केल्ल्या उत्पादनांच्या मार्केटिंगाक सुविधा उपलब्ध करून दिवपाखातीर ग्रामीण उदरगत खात्यान www.goabazar.org ही मार्केटिंग वेबसायट तयार केल्ली आसून ता. 15 ऑगस्ट 2021 दिसा सांजेच्या 3.30 वरांचेर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं वेबसायटीचे लॉचिंग जातले. गोंय राज्य ग्रामीण उपजिविका मिशन राज्य वेवस्थापकामार्फत ग्रामीण उदरगत खाते ह्या वेबसायटीचे काम पळयतले.

गोंय राज्यांतल्या 38,590 आप मजत गटांक आपली उत्पादनां प्रदर्शीत करपाक आनी गोंय तशेंच देशातल्या विक्रेत्यांकडेन वेव्हार करपाक ह्या वेबसायटीचो उपेग जातलो. खरेदीदार आप मजत गटांच्या वांगड्या कडेन संपर्क करून म्हालाची पुरवण आनी रोख पैशांचो वेव्हार करपाक शकतले.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/665

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji